गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी-गोंय

पत्रक

**फोंडेंच्या उपजिल्हो हॉस्पिटलात ओआरएस केंद्राचे उक्तावण**

ता. 18 जून 2019

28 ज्येष्ठ 1941

कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी फोंडेच्या उपजिल्हो हॉस्पिटल प्रकल्पात 17 ते 29 जून 2019 मेरेन राज्यात पाळपात येवपी हागवण नियंत्रण पंद्रशीचो एक भाग म्हुण प्रदर्शन स्टॉल तथा ओरल रिहायड्रेशन सोल्युशन (ओआरएस) केंद्राचे उक्तावण केले.

पावसाच्या दिसानी खास करून ल्हान भुरग्यांक हागवणीची पिडा जावची न्हय म्हुण भलायकी खात्यान भुरग्यांक ओआरएस आनी झिंक दिवपाची वेवस्था केल्या.

हया वेळार उलयतना श्री. गावडे हांणी लोकांमदी भलायकीची काळजी घेवपाविशीं जागृताय जावपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगून जल्माक आयिल्ल्या भुरग्याची कशी काळजी घेवप हेविशी पालकांक मार्गदर्शन करप ही आमची जबाबदारी आसा अशें तांणी सागले.

सरकारी हॉस्पिटला आनी भलायकी केंद्रानी आयज ब-यो भलायकी सुविधा उपलब्ध आसून पालकांनी आपले भुरगे कशें निरोगी आनी घटमूट जातले हाची काळजी घेवपाक जाय, अशेंय श्री. गावडे हांणी सांगले.

कार्यक्रमाक अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्री. जॉन्सन, उपजिल्होधिकारी श्री. केदार नाईक, गट विकास अधिकारी श्री. मिलिंद वेळीप, डॉ. डॉरीन नोरोन्हा आनी हेर अधिकारी हया वेळार हजर आशिल्ले.

सुरवेक डॉ. विकास कुवेलकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी डॉ. स्मिता पार्सेकार हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/वाप/एनजी/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/329